# बाल कल्याण कायद्यांचेर आयोजित प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 11 जुलय 2018
20 आषाढ 1940

बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान बंगळूरच्या राष्ट्रीय लोक सहकार आनी बाल विकास संस्थेच्या जोड पालवान बाल न्याय कायदो 2015 आनी एकात्मिक बाल विकास येवजणेचेर संबंदीत अधिका-यांखातीर पणजे आयोजित केल्ल्या तीन दिसांच्या दिशानिदेशन प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे भलायकी, बायलां आनी भुरगीं उदरगत सचिव श्री. अशोक कुमार हांचे हस्तूकीं आयज उक्तावण जाले.

हया वेळार उलयताना श्री. अशोक कुमार हांणी भुरग्यांच्या कल्याणाखातीर कार्य करपी संस्थांचे अधिकारी आनी प्रतिनिधीक बाल कायद्यांचे गिन्यान मेळचेखातीर अशा दिशानिदेशन कार्यक्रमाची गरज उक्तावून बाल अत्याचार आनी हेर घटनांचेर दैनिकातल्यान बातमी छापतना प्रसार माध्यमानी काळजी घेवपाक सांगले आनी त्याखातीर प्रसार माध्यमांच्या प्रतिनिधीखातीर बाल न्याय कायदे आनी हेर संबंदीत विशयांचेर मार्गदर्शन कार्यक्रम आयोजित करपाचो सल्लो दिलो.

राष्ट्रीय लोक सहकार आनी बाल विकास संस्थेचे पालवी संचालक श्री. अरविंद के. हाणी प्रशिक्षण कार्यक्रमाची माहिती दितना बाल कल्याण, बाल कायदे, बाल सुरक्षा, बाल पुर्नवसन येवजणांची अंमलबजावणी करपाखातीर संबंदीत यंत्रणाखातीर हया दिशानिदेशन प्रशिक्षण कार्यक्रमाचो फायदो जातलो, अशें सांगले.

बाल कल्याण समितीचे अध्यक्ष श्री. गुरूनाथ व्ही.धुमे (उत्तर), श्रीमती लिंडा जुआव (दक्षिण), वांगडी श्री. वाय.बी.तावडे, श्रीमती विजया लक्ष्मी, अॅड.जी.व्ही.मळीक, अपना घराचे उपसंचालक श्री. श्रीपाद आर्लेकर, न्यायदंडाधिकारी श्री. नारायण आमोणकर, बायला आनी भुरगी उदरगत खात्याचे संचालक श्री. दिपक देसाय आनी हेर अधिकारी हयावेळार हजर आशिल्ले.

कार्यक्रम अधिकारी शाराह काझी हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले आनी जोड संचालक श्रीमती दिपाली नाईक हांणी उपकार मानले.